Panaji regional new 05 July 2025,7.20pm

## सहकार स्थापन

मंत्रालयाच्या स्थापन दीसाचो उगडास करपा खातीर सहकार खातें 6 जुलय 2025 दिसा राजीव गांधी कला मंदिर, पोंदा गोंय हांगा एक दीस लांब कार्यावळ घडोवन हाडटा. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे आनी सहकार मंत्री श्री शुबाश शिरोडकर हे मानाचे सोयरे आसतले.

सहकार भारतीचे संस्थापक वांगडी श्री सतीश मराठे हे कीनोट स्पीकर आसतले. ह्या संदर्भार सचीव सहकारूय हाजीर आसतलो.सहकारी संस्थांच्या निबंधकान सगळया लोकांक व्हड प्रमाणांत हाजीर रावचें आनी तें यशस्वी करचें अशें आवाहन केलां.

## साखळी कार्यावळी

गोयचे पंढरपूर म्हणून फामाद आशिल्या दिवचल म्हालातल्या विठ्ठलापुर साखळी हांगासल्ल्या श्री विठ्ठल मंदिरात फालया आषाढी एकादशीनिमित्त विंगड विंगड धार्मिक आनि सांस्कृतिक कार्यावळईंचे आयोजन केला. ह्या निमित्तान श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळसावन स्वहस्ते अभिषेक करपाची संद भाविकांक मेळटली. त्याच प्रमाण दिसभर तरेकवार धार्मिक कार्यावळी आणि सांजवेळा सांस्कृतिक कार्यावळ जातली. त्याचप्रमाणे दिवचल म्हालात

नार्वे ,मुळगाव ,साखळी हरवळे या भागांनी आषाढी एकादशी निमतान तरेकवार कार्यावळीआयोजित केल्यात. इतले मजगतीं आषाढी एकादशीच्या निमित्तान आयज शनिवार साखळी रविंद्र भवनात अवघाची विठ्ठल ही कार्यावळ जातली .विठ्ठला पुरच्या श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळच्यान विंगड विंगड भागातल्या पायी चालत वारी करीत भक्त विठ्ठलापुरात येते.

## कोंकणी भाशा मंडळाची 24वी कथामाळ

मडगाव: कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय हांणी घडोवन हाडिल्ल्या 24व्या शणै गोंयबाब कथामाळेची केंद्र पांवड्या वयली फेरी अंदूं 02 ऑगस्टाक जातली अशें भाशा मंडळान कळीत केला. जिल्हो पातळेवयली फेरी 10 ऑगस्टाक जावपाची आसा.केंद्र पावंड्यावयली ही सर्त वट्ट 19 केंद्रांनी चलतली. बाराय तालुक्यांतल्या 12 सुवातींनी ही सर्त घेतले. त्याशिवाय कुंकळ्ळी, बार्देश, फा◌े◌ंडे, तिसवाडी, शिरोडे आनी मडगांव ह्या स अतिरिक्त केंद्रांनी ही सर्त जावपाची आसा. साश्ट आनी केपे तालुक्याखातीरची सर्त कुंकळ्ळी केंद्राचेर, जाल्यार शिरोडा केंद्राचेर शिरोडे, बोरी आनी पंचवाडी पंचायतीच्या वाठारात येवपी शाळांच्या विद्यार्थ्यांची सर्त जातली. वट्ट 160 वगर परिक्षक आनी 300 वयर आपवावुरपी ही सर्त यशस्वी करपाक वावुरतले अशें कथामाळ सर्तीचे संयोजक उल्हास गांवकार हांणी कळयलां.

पयली ते चवथी, पांचवी ते सातवी आनी आठवी ते धावी अशा तीन गटांनी ही सर्त जातली. ही सर्त विशेश विद्यार्थ्यांच्या शाळांखातीरय उक्ती आसतली अशें कळीत केला.कथामाळ सर्ती संबंदीची सगळी म्हायती आनी नेम गोंयांतल्या सगळ्या मुळाव्या आनी माध्यमीक शाळांनी पावयल्यात अदीक माहितीखातीर, सर्तीचे संयोजक उल्हास गांवकार हांकां 9923765741 ह्या क्रमांकाचेर वा सह-संयोजक गौरांग भांडिये हांकां 8552883808 ह्या क्रमांकाचेर संपर्क करचो अशे हेविशीं उजवाडायिल्ल्या खबरेंत म्हळां.

**शिश्यवृत्ती**

विद्यार्थ्यांनी आपली बुद्धी, भावना आनी कश्ट करपाची तयारी हांचेर आदारून आपली वेवसायीक कारकीर्द वेंचची अशें गोवा विद्या प्रसारक मंडळाच्या आमसभेचे अध्यक्ष श्री भास्कर खांडेपारकर हांणी सांगलें. उर्जा फावंडेशनान आयोजीत केल्ल्या शिश्यवृत्ती वितरण सुवाळयांत आयज ते फोंडा हांगा सरल्या कार्यावळीत उलयताले. गोवा विद्या प्रसारक मंडळ उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या सभाघरांत जाल्ल्या कार्यावळींत उर्जा फावंडेशनाचे अध्यक्ष दुर्गादास परब , राजू बोंद्रे आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. उर्जा फावंडेशन हो फकत दातो आनी विद्यार्थ्यां मदलो दुवो आसा अशें दुर्गादास परब हांणी सांगलें, उर्जा फावंडेशन दातो सोदप आनी तांचे पयशे वा देणगी योग्य विद्यार्थ्यांमेरेन पावोवपाक वावुरता. गोंयच्या वट्ट णव तालुक्यांनी उर्जा फावंडेशनान धावेच्या विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती दिवपाचें काम सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. अंदूं ६०० विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती दिल्या अशीय म्हायती तांणी दिली. ह्या पुराय कार्यावळीचें सूत्रसंचालन वाईकाउंट विद्यालयाचे मुख्याध्यापक राजू बोंद्रे हांणी केलें.

## पगारवाढ पंचायत

फाटल्या 12 वर्सा सावन प्रलंबीत आशिल्ल्या पगारवाढ सरकारान बेगोबग दीवची अशी मागणी अखील गोय पंचायत सचीव पंचायत सचीव संघटणेन आयज पणजे पंचियत संचालकाची भेट घेवन केल्या तशे पंचायत सचिवाचे पद बदलुन ते पंचायत सेवक म्हण करपाच्या सरकिच्या विचाराधीन आशील्ल्या प्रस्तावाक संघटनेन विरोध कूला. अशी पदा बिहार आनी झारखंण्ड राज्यात आसा,गोंयात अशा पदाची गरज ना,आमच्या शैक्षणीक पात्रतायच्या तुळेन हे कमीचे पद थारता अशे संघटनेन म्हणला ,तशेंच सध्याच्या पंचायत सचीवाच्या पदाक पंचायत सेवक पद रूपिंतरीत करपाक संघटनेन विरोध केला.तशेंच AI आदारीत हाजीरी पद्दत फकत पंचायतींत न्हय तर सगळ्या सरकारी कार्यालयांनी चालीक लावपाची गरज आसा अशे संघटनेन म्हणला.अखील गोंय पंचायत संघटनेचे हे प्रस्न एका सप्तका भितर सुटावे करपाचे आश्वासन ह्यावेळार पंचायत संचालकान दिल्या.

## BIS

ग्राहक व्यवहार विभाग आणि भारतीय मानक ब्युरो (BIS) न देशभरातल्या गिरायकांक फक्त BIS-प्रमाणित हेल्मेट वापरपाचे आवाहन केला. विभागान BIS प्रमाणपत्राशिवाय हेल्मेटचे उत्पादन वा विक्री करपाआड कठोर अंमलबजावणी करपाचे आवाहन केला. ग्राहक व्यवहार विभागान आपल्या निवेदनात म्हणला की, फाटल्या आर्थिक वर्षात BIS न BIS मानक चिन्हाचो गैरवापर केल्याबद्दल 30 परस चड सोद घेतिल्लो आणि जप्तीची कारवाय केली.

## Nia 65

राष्ट्रीय तपास संस्थ(एनआयए)न भारतातल्यान अमेरिका आणि हेर देशांत बेकायदेशीर मानवी तस्करी करपी दोगांक अटक केल्या. हिमाचल प्रदेश आणि दिल्लीत दोन सुवातीनी छापे घाले उपरांत आरोपींक अटक केली. एजन्सीन म्हणला की, हे दोनुय आरोपी मुख्य आरोपी गंगदीप सिंगचे लागीचे सहकारी आसात जाका या वरसा मार्चात अटक केल्या. मुख्य आरोपीक एका पीडितेच्या कागाळी वेल्यान कुप्रसिद्ध डंकी मार्गानअमेरिकेत बेकायदेशीरपणान तस्करी केल्ली आणि या वरसा फेब्रुवारीत त्या का भारतात परत धाडील्ले

## हवामान

भारतीय हवामान विभाग (IMD)न आज मध्य प्रदेशात अतिवृष्टीचो रेड अलर्ट जारी केला . मुखावेल्या तीन दिसांत मध्य, उत्तर आणि पूर्व भारतात काय वाठारांनी दडकांनी ते अति

दडकांनी पावसाची शिटकावणी दिल्या. भारतीय हवामान खात्या प्रमाण, या महिन्याच्या ८ तारखे मेरेन कोकण आणि गोवा, महाराष्ट्र, आसाम, मेघालय, छत्तीसगड, पूर्व राजस्थान, पश्चिम बंगाल, गुजरात, झारखंड आणि उत्तराखंडात काय सुवातीनी दडकांनी ते अति दडकांनी पावसाची शिटकावणी  दिल्या.